# <u>सर्गेस्त दयानंद बांदोडकरांच्या उगडासाक नमळायेचीं आर्गां</u>

ता. 12 ऑगस्ट 2025

गोंयचे पयले मुख्यमंत्री सर्गेस्त श्री. दयानंद बांदोडकर हांका आयज तांच्या 53 व्या पुण्यतिथी दिसा नमळायेचीं आर्गां ओपली. शिश्टाचार मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो, वीज मंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू आनी हेर मानेस्तांनी पणजेच्या पोरण्या सचिवालयाकडल्या सर्गेस्त भाऊसाहेब बांदोडकरांच्या पुतळ्यांक फुलाहांर घालून आर्गां ओपलीं.

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अंकीत यादव, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी इग्ना क्लिटस, पुलीस म्हानिरिक्षक श्री. के. आर. चौरासिया आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

तशेंच उपरांत श्री. गुदिन्हो हांणी पर्वरीच्या सचिवालय प्रकल्पातल्या सर्गेस्त भाऊसाहेब बांदोडकरांच्या पुतळ्यांक फुलाहांर घालून आर्गां ओपलीं. छापणावळ खात्याचे सचीव यतींद्र मराळकर, शिश्टाचार सचीव संजीव गडकर, हेर सचीव, अवर सचीव आनी वरिश्ठ अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/684

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.